Time : 3 Hours **KONKANI LANGUAGE II**

**Subject Code**

| H | 4 | 4 | 2 | 2 |
|---|---|---|---|---|

**Total No. of Questions : 37** **(Printed Pages : 8)** **Maximum Marks : 80**

**सुचोवण्यो :** (*i*) दरेका विभागाची जाप नव्या पानार सुरू करची.

(*ii*) प्रस्नांचे आंकडे स्पश्ट बरोवचे.

(*iii*) सगळे प्रस्न सक्तीचे आसात.

(*iv*) उजवे वटेन बरयल्ले आंकडे प्रस्नाचे वट्ट गूण धरचे.

(*v*) प्रस्न क्रमांक 6, 7, 8, 9, 10, 11, 15 आनी 27 ह्या प्रस्नांक अंतर्गत पर्याय आसात.

## विभाग—अ

## (पाठ आनी कविता)

**सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो एका वाक्यांत बरयात :**

1. एकाद्या गुण्यापोंदा मोळयो नक्कीच आसा हें कशें कळटा ? 1

2. डॉ. अब्दुल कलामान जिणेंतली पयली जोड कशी जोडली ? 1

**सकयल दिल्ल्या रित्या सुवातिनी कंसांत दिल्ले योग्य पर्याय वापरून कवितेच्यो वळी पुराय करात :**

3. उगत्या ........................ तेंकून धगा

...................... दियात सगळ्या जगा.

(खळार, याद, साद, मळार) 2

4. तळपां गुंडे चेंचतलो

वझरे व्हाळ .................

बुरशें पाणी प्राणांत घाणी

तुमीच सोंसल्यो तेंच .................. घालतलों

(व्हळोवन, उसपितलों, रकोवन, भरतलों) 2

5. **सकयल दिल्ल्यो जोड्यो जुळोवन परत बरयात :** 3

| 'अ' | | 'ब' |
|---|---|---|
| (*i*) कारवार-एक सोबीत वाठार | • | श्रीमती सुमन सामंत |
| (*ii*) रचना-एक कला | • | डॉ. हरिश्चंद्र नागवेंकार |
| (*iii*) जाण्टे आमकां देवासमान | • | श्री प्रकाश पर्येकार |
| | • | श्री यशवंत पालेकार |

**सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो 5 ते 6 वाक्यांनी बरयात :**

6. भारतीय संगीत आनी पाश्चात्य संगीत हांच्या सुरमेळांतल्यान कवी कितें सांगूंक सोदता ? 3

**वा**

मधु बसंताच्या आगमना उपरांत वाठाराभितर खंयचो खंयचो बदल जाता ?

7. झाडांची मुळां आनी मनशांची मुळां हांचे नातें मुळां कवितेंत कवीन कशे तरेन सुचीत केलां ? 3

**वा**

'आयज तूं येतलो देखून' हे कवितेंतली मोनजात आपणाली भावना कशी उक्तायता ?

**सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो 6 ते 7 वाक्यांनी बरयात :**

8. गोकुळाचें काळीज कांटयान कोंचायिल्लेवरी कित्याक जालें ? 4

**वा**

जिवीक आनी अ-जिवीक कोयर म्हणल्यार कितें तें दरेकाच्यो देखी दिवन सांगात.

9. दो. अरूण संकटात आसतनाय जिणेविशीं आशावादी कसो आशिल्लो ? 4

**वा**

आयची पिळगी स्रमांक आंग चोरता अशें लेखक कित्याक म्हणटा ?

**सकयल दिल्ल्या पद्यांशाचें संदर्भासयत स्पश्टीकरण करात :**

10. केन्ना केन्ना इतिहासाची

पानां परतितना

घळ्ळ जावपी दोळ्यांतली

दोन दुकांय एक दीस......... 4

**वा**

धोल घुमट नासतना, गरनाळींचो नाद ना

पेंपाऱ्यांचो साद ना, आपल्या पेल्या वाद ना

काजाराचें गायन गाजों कोगळी गळयांत.............

**सकयल दिल्ल्या विधानाचें संदर्भासयत स्पश्टीकरण करात :**

11. 'कोण पेज ? लोक ? काय तुमी, तांचे फुडारी ?' 5

**वा**

'नाका रे सायबा, म्हाका तुजे हुमले खायत.'

## विभाग—ब

### (व्याकरण)

**सकयल दिल्लीं वाक्यां कंसांत सुचयल्लेप्रमाण बदलून बरयात :**

12. हस्तिनापुरांतलें शिंवासन ताणी मागूंक ना. 1

(प्रस्नार्थी करात)

13. हया वाठारांत आयतारा दिसा कारवारचो सांते बाजार भरता. 1

(भूतकाळांत बरयात)

14. मनीस (शिक्षण) गिन्यानी जाता. 1

(कंसांत दिल्ल्या उतराक फावो तो विभक्ती प्रत्यय लायात)

15. वर्सांनि वर्स हें झगडें जालेबगर रावचें ना. 1

(हयकारी करात)

**वा**

अब्दुल तुका व्हड जावपाचें आसत तर गांव सोडून वचूंकूच जाय.

(आज्ञार्थी करात)

**सकयल दिल्ल्या वाक्यांत आडी मारिल्ल्या उतरांच्या जाग्यार कंसांत दिल्ल्या योग्य त्या वाक्प्रचारांचो वापर करून विधानां परत बरयात :**

16. भुरग्याक विचारतकीर ताणें दिल्ली जाप आयकून सगले <u>तटास जाले</u>. 1

17. शामी कपलार हात दवरतनाच हांव <u>आंग काडटां</u>. 1

(भियेवप, रडपाक लागप, अजाप जावप, हांसपाक लागप)

**सकयल दिल्ल्या उतरांची उरफाटया अर्थाचीं उतरां बरयात :**

18. पुण्य × 1

19. अस्तंत × 1

**सकयल दिल्ल्या उतरांची विशेशणां करात :**

20. लांबाय 1

21. मनीसपण 1

**सकयल दिल्ल्या उतरांची भावनामां करात :**

22. व्हड 1

23. धीट 1

24. बारीक 1

**सकयल दिल्ल्या ओपारिंचो अर्थ बरयात :**

25. देखलें मडें आयलें रडें. 1

26. बोट दिल्यार हात गिळटा. 1

27. सूंब जळ्ळें पूण पीळ वचना. 1

**वा**

धरल्यार चाबता, सोडल्यार पळटा.

**सकयल कंसांत दिल्ल्या क्रियापदाचें फावो तें रूप रित्या सुवातिनी घालून उतारो पुराय करात :** 4

28. नुस्तें सांबाळपाचें काम भुरग्यांचें, हया कामाखातीर म्हज्या भावाची निवड ................. . हांव ल्हान आशिल्ल्यान 'तुका गुण्यांनी चलूंक कळचें ना' अशें सांगून म्हाका दिपकावणेक व्हरपाचे ................. . पूण म्हजो हट्ट कायम ................. . दिवो पेटोवंचे पयलीं हांव शेणूल आनी पिशवी घेवन तयार .................... .

(रावप, धांवप, टाळप, जावप, आसप, पळप)

## विभाग—क

## (रचना)

29. **'घरचें खाण आरोग्याक बरें' हया विशयाचेर शिक्षक/विद्यार्थ्यां मदीं जाल्लो संवाद 10 ते 12 वाक्यांनी बरयात.** 5

30. **सरकारी उच्च माध्यमीक विद्यालयांत आयोजीत केल्ल्या 'तियात्र महोत्सव' हे कार्यावळीची आमंत्रण-पत्रिका/आपोवणें तयार करात.** 5

**सकयल दिल्लो उतारो वाचून ताचेर विचारिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो तुमच्या उतरांनी बरयात :**

शेतकार करीत आयला तें काम ताणें आपणांकडेन परंपरेन आयलां म्हणून स्विकारलां. तो तें आपणालें कर्तव्य आनी पोटाची, कुटुंबाची राखण म्हणून करीत आयला. ताणे आपूण करतां त्या कामाच्या तुलनेन, दुसऱ्या वर्गांतली व्यक्ती कितलें कमायता हाचो हिशोब करूंक ना. आज शेतीचो विकास करतल्यांक वेगळीच जोड जावपाची खात्री जाल्या. ती शेती सुदारिल्ले पद्दतीन करून आनी तिका लागपी आवतां, सारीं आनी वखदांची जोड दितकीर शेतीचो विकास भरपूर करूं येता. आज इतली म्हारगाय वाडली तरीकय शेतकरी वर्ग जाय त्या प्रमाणांत श्रीमंत जाल्लो ना. तांचे कांय भुरगे शिक्षण सारकें घेनात आनी वायट व्यसनांनी भागी जातात. तांणी घरचें, गांवच्या भल्याचें, काम करीत रावचें अशी अपेक्षा आसता. दुसऱ्यांच्या कश्टाचेर जगपाक आनी आयतें खावपाक सोदपाची वृत्ती बंद जाववाक जाय.

(राम बाळकृष्ण प्रभु चोडणेकार)

जिवीत यात्रा

**प्रस्न :**

31. शेतकार शेतकाम कित्याखातीर करीत आयला ? 1

32. शेतकारान कसलो हिशोब करूंक ना ? 1

33. शेतकारांच्या भुरग्यांकडल्यान कितें अपेक्षा आसता ? 1

34. वयल्या उताऱ्यांत कसली वृत्ती बंद जावपाक जाय अशें म्हणलां ? 1

35. उताऱ्याक फावोसो माथाळो दियात. 1

36. **विजय/विजया गांवकर, घर न. 75, खोल, काणकोण साकून दिल्ल्या पदाखातीर अर्ज करता अशें समजून तुमी अर्ज करात.** 5

जायरात

**संगीत शिक्षक (Music Teacher)**

शिक्षणीक पात्रताय : संगीत शास्त्राची पदवी

: कोंकणी भाशेचें गिन्यान

अणभव : उण्यांत उणें एक वर्स

पुराय म्हायती सयत अर्ज करात

संपर्क : वेवस्थापक

सेंट पिटर उच्च माद्यमीक विद्यालय

केपें गोंय.

37. **सकयल दिल्ल्या खंयच्याय एका विशयाचेर सुमार 250 उतरांनी निबंद बरयात :** 8

- मायभाशेची व्हडवीक
- सैम आमची जीण
- समाजातलों वाडटो भ्रश्टाचार
- एका वृद्धाश्रमाची आपजीण.